\

# गोवा कोंकणी अकादेमी

पणजी-गोंय

## विद्यार्थी लेखकाचे भेटेक

- येवजणेचे वर्स :---------------------------------- ----------------------
- येवजणेचो उद्देश : कोंकणी विशय शिकपी भुरग्यांक ताच्या पाठ्य पुस्तकांतल्या लेखकांची वळख करुन घेवपाची आनी ताचेंकडेन संवाद करपाची संद उपलब्ध करुन दिवप.

**येवजणेचें नेम :**

1) कोंकणी पाठ्य पुस्तकांतल्या कमीत कमी दोन लेखकांची भेट तांच्या राबित्या घराकडेन वचून घेवची पडटली. कांय कारणांखातीर लेखकाक जाव शाळेच्या जाळवणदारांक ती अकादेमींत जावचें अशें दिसलें जाल्यार ही कार्यावळ अकादींच्या सभाघरांत थारावची.

2) लेखक आयोजक संस्थेक अकादेमीच्या सल्ल्यान थारावचो पडटलो.

3) शिकपी भुरग्यांनी लेखकांची भेट सहलिच्या रुपान तांच्या घराकडेन वा अकादेमीत वचून घेवची पडटली. एका लेखकागेर कमीत कमी तीं दोन वरां तरी सारचीं पडटली आनी लेखकाच्या लिखाणाची वाठाराची आनी जिवीताची वळख करुन घेवची पडटली.

4) विद्यार्थ्यांच्या पंगडा वांगडा एक-दोन तरी शिक्षकांचो आस्पाव आसचो पडटलो.

5) चडांत चड रु. 10,000/- मेरेन अकादेमी फारिक करतली. तातूंत लेखकागेर वचपाच्या वाहनाचो खर्च, लेखकाक भेटवण/मानधन फोटोग्राफर, बॅनर, विद्यार्थ्यांक च्या-खावपाक हाचो आस्पाव जातलो.

6) जे संस्थेक हे येवजणेचो लाव घेवपाचो आसा तांणी लेखकाचें नांव दिवन स्थळ आनी कोंकणी शिकपी भुरग्यांचो तपशील दिवन अर्ज करचो पडटलो.

7) अकादेमीत आयिल्ल्या अर्जाची छाननी करुन योग्य संस्थेचो अर्ज स्विकारतली आनी संस्थेक कार्यावळ करपाक लिखीत मान्यताय दितली. मान्यताय मेळ्ळ्या उपरांत संस्थेन अकादेमीच्या सहकार्यान कार्यावळ आयोजीत करची पडटली.

8) वयल्या खंयच्याय नेमांत बदल करपाचे अधिकार अकादेमी राखून दवरता.

# <u>विद्यार्थी लेखकाचे भेटेक खर्चाचो तपशिल</u>

**50 जाणांखातीर चडान चड खर्च रु. 10,000/-**

1. कार्यावळीचो वेळ :- एका लेखकांकडेन दोन वरां ( 2.00 )

2. थळ : - लेखकाचो राबितो नाजाल्यार अकादेमीचें सभाघर

3. **अकादेमी हे येवजणेखाला खर्च मानून घेतली तो असो :**

   (1) कमीत कमी 50 भुरग्यांक मिनीबस, मिनीबसीचें एका दिसांचें भाडें चडान चड रु. 4000/-

   (2) फोटोग्राफर खर्च रु. 500/ ( रुपया पांचशे फक्त )

   (3) कुल 50 भुरग्याक च्या-पाणी आनी खाण (Refershment)
   @ 50 x 50/- = 2500/- ( रुपया एक हजार दोनशें पन्नास फक्त)

   (4) लेखकांक मानधन रु. 1500/- प्रमाण ( दोन लेखकांक)

   (5) कुल खर्च रु. 10,000/- ( रुपया धा हजार फक्त)

4. जे संस्थेक हे येवजणेचो लाव घेवपाचो आसा तांणी लेखकाचें नांव दिवन स्थळ आनी कोंकणी शिकपी भुरग्यांचो तपशील दिवन अर्ज करचो.

5. एका वर्साक अकादेमी चडांत चड 5 अर्जांक मान्यताय दितली.

6. अकादेमीत आयिल्ल्या अर्जाची छाननी करुन योग्य संस्थेचो अर्ज स्विकारतली आनी संस्थेक कार्यावळ करपाक लिखीत मान्यताय दितली. मान्यताय मेळ्ळ्या उपरांत संस्थेन अकादेमीच्या सहकार्यान कार्यावळ आयोजीत करची पडटली.